## शिनाण्यो पोसपाच्या  नुस्त्या शेती चेर  जागृताय कार्यक्रम जालो

ता. 26 मे  2023

गोंयचें तरणाटें शिनाण्यो, सुंगटा आनी हेर नुस्त्या शेती कडेन वळपाक लागिल्ल्यान थळाव्यां नुस्तेमारी वेवसायांत सकारात्मक बदलाचे संकेत दिसपाक लागल्यात अशें नुस्तेमारी  वेवसाय मंत्री श्री नीळकंठ हळर्णकर हांणी सांगलें.

श्री. हळर्णकर आयज नुस्तेमारी संचालनालयान तिसवाडीतल्या  आखाडा सांतइस्तेव्ह हांगा शिनाण्यो नुस्त्या शेतीचेर आयोजीत जागृताय कार्यक्रमात उलयताले.

तरणाट्यांक शिनाण्यो, सुंगटा आनी हेर नुस्त्या शेती वेवसाय करपाक प्रोत्साहन दिवन तांकां आपली येणावळ वाडोवपाची संद उपल्बध करपा वांगडाच पारंपरीक नुस्त्या वेवसाय सांबाळून दवरपाचो सरकाराचो प्रयत्न आसा आनी त्या दृश्टीन नुस्तेमारी खात्यान अनेक येवजणो चालीक लायिल्ल्याचें श्री. हळर्णकर हांणी सांगलें.

कुंभारजुवा मतदारसंघाचे आमदार आनी गोंय पुनर्वसन मंडळाचे अध्यक्ष श्री. राजेश फळदेसाय हांणी सांतइस्तेव्ह वाठारांत शिनाण्यो पोसपाचो प्रकल्प सुरू केल्ले खातीर नुस्तेमारी  वेवसाय मंत्री श्री नीळकंठ हळर्णकर हांचे उपकार मानून हो प्रकल्प  सांतइस्तेव्ह वाठारांतल्या नुस्तेमारी वेवसाय करपी कुटुंबांक फायदेशीर थारतलो,  अशी आस्त उक्तायली. तांणी थळाव्यां लोकांक ह्या प्रकल्पाचो लाव घेवन शिनाण्यो पोसपाचो वेवसाय करपाचो सल्लो दिलो.

नुस्तेमारी खात्याच्यो संचालक डॉ. शमिला मोंतेरो हांणी खात्याच्या साबार येवजणांची म्हायती दिली.

दत्तराज तारी हांणी  शिनाण्यो पोसपाच्या  शेती वेवसायातलो आपलो अणभव ह्या वेळार उपस्थितांक सांगलो.

ह्या वेळार सांतईस्तेव्हच्यो  सरपंच श्रीमती स्मिता ए. सावंत,  उपसरपंच श्री इस्तेव्ह एस. रिबेरो,  पंच वांगडी सायरा आर. नार्वेकर आनी नुस्तेमारी खात्याचे  अधिकारी  उपस्थित आशिल्लें.

नुस्तेमारी खात्याचे उपसंचालक   श्री.चंद्रकांत वेळीप हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.  कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन विशाल गवस हांणी केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/440

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.